# <u>सदभावना  दीस पाळ्ळो</u>

ता. 20 ऑगस्ट 2024

देशाचे आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त राजीव गांधी हांच्या जयंती दिसा निमतान आयज सदभावना दीस पाळ्ळो. पर्वरे सचिवालय प्रकल्पात आयोजीत कार्यक्रमात वित्त खात्याचे प्रधान सचीव डॉ. व्ही. कांदवेल्लू हांणी सर्गेस्त राजीव गांधी हांच्या फोटवाक फुलांहार घालतले आनी सचिवालयांतल्या कर्मचाऱ्यांक सदभावना दिसाचो सोपूत दिलो.

देशातल्या सगळ्यां जाती-धर्मांतल्या लोकांमदी राष्ट्रीय एकात्मता आनी जातीय सलोखो वाडिक लावपाखातीर प्रत्येक वर्सा 20 ऑगस्टाक देशाचे आदले प्रधानमंत्री सर्गेस्त राजीव गांधी हांच्या जयंती दिसा सदभावना दीस पाळपात येता.

म्हायती सचिव श्री. सुभाष चंद्रा, अतिरिक्त सचिव श्री. विकास गावणेकर, एससीईआरटी संचालक श्रीमती मेघना शेटगांवकर, हेर सरकारी सचिव, अवर सचिव आनी अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/     / विगां/ 2024/429

---

Issued by the
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.